**पत्रकारांखातीरच्या निवृत्ती वेतन रक्कमेत वाड करपाचे मुख्यमंत्र्यांचे उतर**

ता. 16 नोव्हेंबर 2021

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज निवृत्त पत्रकारांखातीरच्या निवृत्ती वेतन येवजणेत सुदारणा करून निवृत्ती वेतन रक्कमेत योग्य वाड करपाची घोशणा केली. तशेंच राज्यांतल्या ज्येश्ठ पत्रकाराक दिवपात येवपी जीणेगौरव पुरस्काराच्या मानधनात वाड करपाचेय उतर दिले.

मुख्यमंत्री आयज म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्यान गोंय संपादक मंडळ, गोंय पत्रकांर संघ, गोंय फोटो पत्रकांर संघटना, इलेक्ट्रॉनिक माध्यम पत्रकांर संघटना, खेळां पत्रकांर संघटना आनी दक्षीण गोंय पत्रकांर संघटनेच्या जोड पालवान पाटो पणजी हांगा कला आनी संस्कृती संचालनालयाच्या सभाघरांत आयोजीत राष्ट्रीय पत्रकारिता दीस कार्यक्रमात उलयताले.

फुडें उलयतना मुख्यमंत्र्यान लोकशाय समाजात पत्रकारिता म्हत्वाची आशिल्ल्याचे सांगलें. पत्रकारितेंतल्या योगदानाखातीर दिवपात येवपी जीणेगौरव पुरस्कार फावो जाल्ल्या पत्रकारांच्या कार्याचेर सरकार पुस्तक शापतले, जाचो फायदो फुडल्या पत्रकारांक जातलो , अशेंय मुख्यमंत्र्यान सांगलें.

मुख्यमंत्र्यान पत्रकारांचे प्रलंबीत प्रस्न सोडोवपाचे उतर दिवन प्रगतशील समाज घडोवपा खातीर पत्रकारांनी बरें काम करपाचो उलो मारलो.

ह्या वेळार पत्रकारितेंतल्या योगदानाखातीर ज्येश्ठ पत्रकार श्री. गुरूदास सिंगबाळ हांका 2021 चो डॉ. टी. बी. कुन्हा जीणेगौरव पुरस्कार भेटयलो.

तशेंच नामनेचे पत्रकांर विनायक नाईक, सुधीर सबनिस, सिमॉन आल्फोन्स, सर्जीयो काल्देरा आनी सुहास बेळेकर हांकां पत्रकारितेंतल्या योगदानाखातीर पुरस्कार भेटयलो.

कार्यक्रमाचे मुखेल वक्ते नामनेचे पत्रकार श्री. प्रशांत पंजियार हांणी समकालीन पत्रकारितेत फोटो पत्रकारितेचेर भर दिवन छायाचित्रातल्यान प्रत्यक्ष म्हायती दिवपाचो प्रयत्न करपात सांगले.

ह्या वेळार म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्यान आयोजीत केल्ल्या सर्तीच्या जैतवंतांक इनामां भेटयली. राष्ट्रीय एकात्मता आनी सामाजीक सलोखो गटांत उत्कृश्ट संपादक पुरस्कार गोवन वार्ता लायवचे पालवी संपादक श्री. सचीन खुटवळकर हांका गोंय 60 मुक्तीदीस विशेश ह्या संपादकीय बरपा खातीर, ग्रामीण पत्रकारितेखातीरचो पुरस्कार टाईम्स ऑफ इंडियाचे श्री. न्युटन सिक्वेरा हांका , भौशीक

भलायकी आनी नितळसाण बरपा खातीर टाईम्स ऑफ इंडियाचे श्री. न्युटन सिक्वेरा हांका आत्महत्ते फाटल्यान सामाजीक कारणां ह्या बरपा खातीर, भुरगीं आनी सामाजीक विशयावयल्या बातमी खातीर इन गोवाचे अक्षय लाड हांका, खेळां पत्रकारितेखातीर टाईम्स ऑफ इंडियाचे मार्कुस मर्गुल्हो हांका, कला आनी संस्कृती पत्रकारितेखातीर टाईम्स ऑफ इंडियाचे मार्कुस मर्गुल्हो हांका, उत्कृश्ट छायाचित्रकार पुरस्कार राजतिलक नाईक हांका पुरस्कार फावो जालो.

शिक्षणिक पत्रकारितेखातीर प्रुडंटाचे श्री. विश्वनाथ नेने हांका, सरकारच्या प्रगतीचेर पत्रकारितेखातीर टाईम्स ऑफ इंडियाच्यो लिझा मोन्तेरो हांका पुरस्कार भेटयलो. तशेंच गोंय राज्य फोटो सर्त आनी प्रदर्शन येवजणेखाला म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्यान आयोजीत केल्ल्या सर्तीच्या सांस्कृतीक गटात हेमंत परब, नारायण पिसुर्लेकर आनी गणेश शेटकर हांकां जाल्यार हिंटरलॅण्ड पर्यटन गटात रोहन फर्नांडिस हांका पयले, उपेंद्र नाईक हांका दुसरे आनी राजतिलक नाईक हांकां तिसरे इनाम भेटयले

सुरवातीक म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्याचे संचालक श्री. दीपक बांदेकर हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो.

कार्मिक खात्याच्यो जोड सचीव श्रीमती मेघना शेटगांवकर, धारबांदोडाचे उपजिल्हाधिकारी श्री. रमेश नाईक आनी म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्याच्या कर्मचाऱ्यांक कोवीड म्हामारीच्या काळांतल्या योगदानाखातीर प्रशस्तीपत्र भेटयले.

जोड संचालक श्री. केदार नाईक, म्हायती अधिकारी प्रकाश नाईक, ऑल्विन परेरा आनी हेर अधिकारी कार्यक्रमाक उपस्थित आशिल्ले.

पालवी म्हायती अधिकारी श्री. श्याम गावकर हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/955

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji